**<u>कला आनी संस्कृती खात्याचे युवा सृजन पुरस्कांर जाहीर</u>**

ता. 12
नोव्हेंबर 2021

गोंय सरकाराच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयांन 2021-22 वर्सा खातीरचे राज्य युवा सृजन पुरस्कांर जाहीर केल्यात. कला आनी संस्कृती संचालनालयावतीन साहित्य, संगीत, नाटक, तियात्र, चित्रकला, छायचित्रण, लोककला अशां मळार उत्कृश्ट योगदान दिवपी 45 वर्सां सकयल्या व्यक्तिंची ह्या पुरस्कारांखातीर निवड करतात.

2021-22 च्या युवा सृजन पुरस्काराखातीर फादर मायरॉन जेसन बार्रेटो, काणकोण (साहित्य), समीर वायंगणकर, पेडणे (संगीत), विशाल बाबली गांवस, सत्तरी (नाटक), अगीमा फर्नांडिस, साश्ट (तियात्र), राजतिलक नाईक, बार्देस (चित्रकला/छायाचित्रण), प्रेमनाथ केरकर, फोंडें (लोककला), श्रीमती वनिता कुर्टीकर, फोंडें (नाटक), संदेश सोनु नाईक (चित्रकला) आनी श्रीमती सिध्दी सुर्लकर उर्फ पिळगांवकर, फोंडें (संगीत) हांची निवड जाल्या.

रोख 25,000/- रूपया, प्रशस्तीपत्र आनी यादस्तीक अशें पुरस्काराचे स्वरूप आसा. पुरस्कार वितरणाची तारीख उपरांत कळयतलें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/943

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji